**<u>नवी दिल्लीत आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात गोंयचो सहभाग</u>**

ता. 11 नोव्हेंबर 2022

नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानाचेर 14 ते 27 नोव्हेंबर 2022 मेरेन आयोजीत केल्ल्या 41 व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात देशातली हेर राज्यां आनी संघप्रदेशासयत गोंय राज्य सहभागी जातले. आत्मनिर्भर भारताचे उद्दीश्ट साध्य करपाच्या प्रधानमंत्र्यांच्या व्हिजनाचेर आदारीत "व्होकल फॉर लोकल, लोकल टू ग्लोबल" अशी ह्या वर्साच्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्याची संकल्पाना आसा.

प्रगती मैदानाचेर गोंयच्या दालनासयत हेर राज्यां आनी संघप्रदेशांच्या दालनांक आत्मनिर्भर भारताची संकल्पाना आसतली. प्रगती मैदानाचेर सुमार 51,000 चौ. मी. क्षेत्रांत प्रदर्शन मांडपात येतले. गोंयचे दालन सुमार 60 चौ. मी. जागेत उबारपात येतले. प्रत्येक वर्सा गोंय राज्य ह्या मेळाव्यात वाटो घेता आनी त्या खातीर म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते नोडल एजन्सी आसा.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यासयत उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य खाते, पर्यटन खाते, हस्तकला, टॅक्सटायल आनी कॉयर, गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळ, उद्देगीक विकास म्हामंडळ आनी गुंतवणूक प्रोत्साहन मंडळ ह्या मेळाव्यात सहभागी जातले.

प्रगती मैदानाचेर उबारपात येवपी गोंयच्या पेव्हेलीनात गोंयची प्रगती, गोंयांत गुंतवणूकी खातीर उपलब्ध आशिल्ल्यो साधनसुविधां, पर्यटन, गोंयची खाणां-जेवणां, सरबराय, कला- संस्कृती आनी हेर सुविधांचेर प्रदर्शन मांडपात येतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/702

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji